आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरा

3rd August 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, स्वदेशी भावना जागोवन, थळाव्या उत्पादनांचो वापर करचो, असो उलो नागरिकांनी मारला.

- वेंचणूक आयोगान मतदार वळेरी तयार करपाक म्हत्वाची भुमिका करपी, बूथ लेव्हल अधिकाऱ्यांचें मानधन, दुपेटीन वाडयला.

- देशभरांतल्या जायत्या केंद्रांनी आयज, सकाळी 9 वरासावन NEET PG परिक्षा जातली.

- कझाकस्तानांत संवसारीक Athletics Continental Tour Bronze सर्तींत, भारताच्या मुरली श्रीशंकर हाणें दादल्यांच्या लांब उडींत, भांगरा पदक जिखलें.

- अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, सिक्किम आनी अस्तंत बंगाल ह्या दोंगराळ वाठारांनी, आयज मोठ्या प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

पीएम हेपतो -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्वदेशीची भावना आपणावन थळाव्या उत्पादनांक आदार दिवचो, असो उलो नागरिकांनी मारला. उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसींत जाल्ल्या कार्यावळींत संबोधन करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी, संवसारीक अर्थीक अनिश्चितताये मदीं देशाची खरी सेवा, देशी वस्तूंचो प्रसार करपांत आसा, हांचेर तांणी भर दिलो. संवसारांतली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था जावपाची तयारी आशिल्ल्या भारतान, आपल्या अर्थीक हिताक, खासा करून शेतकार आनी ल्हान उद्देगांक प्राधान्य दिवचें पडटलें, अशें प्रधानमंत्रीनी सांगले. महात्मा गांधीक श्रद्धांजली म्हणून नागरिकांक आनी वेपाऱ्यांक खास करून, येवपी उत्सवाच्या हंगामांत "मेक इन इंडिया" उत्पाद आपणावपाचो उलो, तांणी मारला.

PM Varanasi - 190

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल, उत्तर प्रदेशातल्या वाराणसीत देशभरातल्या 9 कोटी सत्तर लाख मायज शेतक-यांच्या खात्यात, पीएम-किसान सन्मान निधी योजनेअंतर्गत 20व्या हप्त्याची 20,500 कोटी मायज रक्कम, हस्तांतरित केली. या कार्यावळीचे थेट प्रसारण देशभरात केले. गोयांतूय साखंळे रवींद्र भवनात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत, या कार्यावळीचे थेट प्रसारण जाले. या कार्यावळीत राज्यातल्या वेगवेगळ्या भागातले पीएम-किसान सन्मान निधी येवजणेचे लाभार्थी शेतकरी, मोठ्या

संख्येन सहभागी जाल्ले. प्रधानमंत्री मोदी शेतकारांच्या प्रति, खूब संवेदनशील आसात, अशें मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हाणी ह्या वेळार, उलयतना सांगले. पीएम-किसान सम्मान निधी येवजणे खाला, प्रत्येक शेतकाऱ्याक  2000 रूपया याप्रमाणे वरसात, तीन हप्त्यांचे एकुण स हजार रुपया, थेट खात्यात, हस्तांतरित जातात, अशा प्रकारची ही शेतकारांक अर्थीक लाव दिवपी येवजण आसा, अशें मुख्यमंत्र्यांनी सांगलें. गोंयतल्या सुमार साडे स हजार शेतकारांच्या बँक खात्यांत, आतां मेरेन 20 हप्त्यांची एकूण  24 कोटीची रक्कम जमा जाल्या, अशें मुखेलमंत्री सावंत हाणी  मुखार सांगले. शेती आणि शेतक-यांच्या सक्षमीकरणाखातीर गोय राज्य सरकारच्या वतीन, वेग वेगळ्यो येवजण्यो तालुका आणि गांव पातळेचेर चालिक लायतात. विकसीत भारत @2047 आनी विकसीत गोंय @2037 हें ध्येय साध्य करपा खातीर, तुमी सगळ्यांनि सहकार्य करचें, अशें आवाहन मुख्यमंत्र्यानी केलें. हे येवजणेविशीं सुर्लाचे सरपंच संजय सुर्लेकर हाणी आपले, मत उक्तायला.

BLO – 105

मतदारांची वळेरी तयार करपाक म्हत्वाची भुमिका करपी बूथ लेव्हल अधिकाऱ्यांचें (बीएलओ) मानधन  वेंचणूक आयोगान दुपेटीन वाडयला आनी बीएलओ सुपरवायझरांचेय मानधन  वाडयल्यात. बीएलओचे वर्सुकी मानधन  स हजार रुपया वयल्यान बारा हजार रुपया मेरेन वाडयला. तशेंच बीएलओची प्रोत्साहन रक्कम एक हजार रुपया वयल्यान दोन हजार रुपया मेरेन वाडयल्या. आतां पयलेच खेपे वेंचणूक नोंदणी अधिकारी आनी सहाय्यक वेंचणूक नोंदणी अधिकाऱ्यांकय मानधन मेळटलें. वेंचणूक नोंदणी अधिकाऱ्यांक तीस हजार आनी सहाय्यक वेंचणूक नोंदणी अधिकाऱ्यांक पंचवीस हजार रुपया दितले. बिहारांत सघन सुदारणा कार्यांत वांटो घेवपी बीएलओ खातीर स हजार रुपयांची खाशेली प्रोत्साहन रक्कम वेंचणूक आयोगान मान्य केल्या.

NEET - 45

वैजकी प्रवेशा खातीर NEET PG परिक्षा आयज देशभरांतल्या जायत्या केंद्रांनी जातली. सकाळीं 9 ते दनपारां 12.30 मेरेन एकाच शिफ्टांत सुमार 2.5 लाख उमेदवार परिक्षेक हाजीर रावपाचे आसात. ही परिक्षा संगणकाचेर आदारित आसता. उमेदवारांनी सगळ्यो सक्तीच्यो कागदपत्रां आपल्या वांगडा व्हरच्यो पडटात. नाजाल्यार उमेदवारांक परिक्षा केंद्रांत प्रवेश नाकारु येता.

आश्विनी वैष्णव  -

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज, भावनगर रेल्वे स्टेशना वयल्यान, भावनगर-अयोध्या कँट सप्तकी रेल्वेक बावटो दाखयले. तशेंच ते एक रीवा आनी पुणे हांचेमदीं आनी दुसरी जबलपूर आनी रायपूर अशा आनीक दोन रेल्वे गाड्यांचे, उक्तावण करतले. ह्या वेळार गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल, मध्य प्रदेशाचे मुख्यमंत्री मोहन यादव,

छत्तीसगढचे मुख्यमंत्री विष्णु देव साय हांचे वांगडा, केंद्रीय मंत्री मनसुख मांडवीया हाजीर आसतले.

अन्न सुरक्षा -

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान, आयुष मंत्रालयाच्या सल्ल्यान, आयुर्वेद आहार वर्गा खाला, आयुर्वेदीक अन्न तयार करपाची निश्चीत वळेरी जाहीर केल्या. 2022 वर्सा अन्न सुरक्षीतताय आनी मानक नियमन सुरू जाले उपरांत, हें म्हत्वाचें पावल, भारताची मनादिक अन्न म्हायती, मुखेल प्रवाहांत हाडटा. हे नेम अधिकृत आयुर्वेदीक ग्रंथांतल्यान मेळपी रेसिपी, घटक आनी प्रक्रिया हांचेर आदारीत खाणां-जेवणांक मान्यताय दितात आनी नवी वळेरी गिरायक आनी वेवसायांमदि अपूर्व स्पश्टताय आनी आत्मविस्वास हाडटा.

WRESTLING - 55

ग्रीसांत 17 वर्सां सकयल्या संवसारीक कुस्ती सर्तींत भारतीय कुस्तीगीर लायकीन दादल्यांच्या 110 किलो फ्रीस्टाइलांत रुप्या पदक मेळयलां. मजगतीं, आनीक एक भारतीय कुस्तीगीर सिटेंडरान दादल्यांच्या 60 किलो फ्रीस्टाइल सर्तीच्या फायनलींत प्रवेश केला. उपांत्य फेरयेंत सिटेंडरान कझाकस्तानाचो बेकासिल असंबेक हाका हारयलो. 65 किलो फ्रीस्टाइल सर्तींत भारताचो गौरव पूनिया इराणाचो मोर्तेझा मुल्ला मोहम्मदी हांचे कडेन हारलो.

क्रिकेट -

क्रिकेटांत आयज, लंडनांतल्या द ओव्हलांत, अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीचे पांचवे आनी निमाणे, कसोटीच्या चवथ्या दिसा येजमान इंग्लंड भारता आड दुसरो डाव सुरू करतले. भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 3:30 वरांचेर, हि मॅच सुरू जातली. भारतान थारायिल्ल्या 374 धांवड्यांच्या मोखी फाटल्यान धांवपी इंग्लंडान, काल तिसऱ्या दिसा एक बाद 50 धांवड्यो केल्यो.

लांब उडी -

कझाकस्तानांत जाल्ल्या, संवसारीक Athletics Continental Tour Bronze सर्तींत, भारताच्या मुरली श्रीशंकर हाणें, दादल्यांच्या लांब उडींत, भांगरा पदक जिखलें. हालींच दुखापत जावन परतून आयिल्ल्या श्रीशंकरान, वयल्या पांवड्यार रावपाच्या सुरवातीच्या यत्नांत, 7 पूज्य 94 मीटरांचेर सगळ्यांत बरो यत्न केलो. फिलीपीन्सचो जॅनरी उबास (7.53 मीटर) हाका रुप्या जाल्यार आझर-बैजानच्या नाझीम बाब्येन (7.48 मीटर)

हाका कांस्य पदक मेळले. श्रीशंकर सध्या 2025 वर्साच्या, संवसारीक एथलेटिक्स चॅम्पियनशिपांत पात्रताय मेळोवपाच्या, यत्नांत आसा.

IMD - 70

दिल्लींत काल रातीं सावन हळुवार सरी चालू आसा. हवामान खात्यान आयज दिल्लींत ढगाळ हवामान आनी गडगड वांगडा हळुवार पावसाचो अदमास उक्तायला.

अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, सिक्किम आनी अस्तंत बंगाल ह्या दोंगराळ वाठारांनी खूब पावस पडपाची शक्यताय आसा.

आयज बिहार, उदेंत उत्तर प्रदेश, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी उत्तराखंडांत खूब व्हड पावस पडूं येता. मध्य प्रदेश, राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, लक्षद्वीप, रायलासीमा आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांतय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, स्वदेशी भावना जागोवन, थळाव्या उत्पादनांचो वापर करचो, असो उलो नागरिकांनी मारला.

- वेंचणूक आयोगान मतदार वळेरी तयार करपाक म्हत्वाची भुमिका करपी, बूथ लेव्हल अधिकाऱ्यांचें मानधन, दुपेटीन वाडयला.

- देशभरांतल्या जायत्या केंद्रांनी आयज, सकाळी 9 वरासावन NEET PG परिक्षा जातली.

- कझाकस्तानांत संवसारीक Athletics Continental Tour Bronze सर्तींत, भारताच्या मुरली श्रीशंकर हाणें दादल्यांच्या लांब उडींत, भांगरा पदक जिखलें.

- अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, सिक्किम आनी अस्तंत बंगाल ह्या दोंगराळ वाठारांनी, आयज मोठ्या प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.